१२-०१-२०२६

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**अधिवेशन**

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे अभिभाशणान पाच दिसांच्या शिंयाळी अधिवेशनाक आयजसावन सुरवात जाता. बर्च दुर्घटणेत जाल्या 25 जाणांच्या मरणाविशीचो उल्लेख अभिभाशणात आसतलो काय? हे विशी उमळशीक आसा. अधिवेशन शुक्रार 16 जानेवारी मेरेन चलतले. फाल्या पयले दिसा राज्यपालांच्या अभिभाशणा उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कामकाज सल्लागार समितीचो अहवाल सभाघराच्या पटलाचेर दवरतले. पयले दिसा फकत राज्यपालांचे अभिभाशण इतलेच कामकाज आसा. फाल्या मंगळार सावन प्रस्नोत्तराच्या सत्रान कामकाजाक सुरवात जातली. भूंयमहसूल दुरूस्ती, वॅट दुरूस्ती ही विधेयकां सभाघरात सादर जातली. शुक्रारा  निमणो दिस हो खासगी कामकाजाचो दीस आसतलो. हे दिसा खासगी प्रस्तावाचेर चर्चा जातली.

**मुख्यमंत्री**

आयज राश्ट्रीय युवा दिस. स्वामी विवेकानंद हांच्या जल्मदीसा निमतान हो दिस मनयतात. गोंयचे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या तरणाट्यांक युवा दिसा निमतान  परबीं भेटयल्या. तरणाटे हे राष्ट्राच्या फाटीचो कणो आनी ताचो फुडार घडोवपाक निर्णायक भुमिका करतात हाचेर डॉ सावंत हांणी आपल्या संदेशांत भर दिलो. आयच्या अत्यंत स्पर्धात्मक संवसारांत शिक्षणाक सगळ्यांत चड म्हत्व आसा, कारण तातूंतल्यान तरणाट्या मनांक येस मेळोवपाक आनी समाजांत अर्थपूर्ण योगदान दिवपाक गरजेचीं गिन्यान, कुशळटाय, शिस्त आनी मुल्यां सशक्त जाता अशें तांणी रेखांकित केलें.स्वामी विवेकानंदाच्या आदर्शांतल्यान प्रेरणा घेवन तरणाट्यांक शिक्षण, नवनिर्माण, आनी चरित्र निर्मितीचेर लक्ष केंद्रीत दवरचें अशें मुख्यमंत्र्यानी सांगला. तांणी आपली उर्जा आनी प्रतिभेक सकारात्मक दिशेन व्हरपाक आनी जबाबदार नागरीकत्व, समाजसेवा, उद्देजकता, आनी उदरगतीच्या

उपक्रमांनी वांटो घेवन राष्ट्र निर्माण करपाच्या सरकाराच्या यत्नांत सक्रीयपणान सामील जावपाचो उलो मारला.

**मराठी संमेलन समारोप**

मराठी भाशा गोंयांत पुरातन काळा सावन आसा. मराठी भास, मराठी संस्कृताय आनी मराठी मनीस हे त्रिकुट चडानचड परिणामकारक थारचें, अशी आस्त केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी जागतिक मराठी संमेलनाच्या समारोप सुवाळ्याक उक्तायली. मुखेल सोयरे हे नात्यान ते उलयतालें.पणजे कला अकादमीत आयज शोध मराठी मनाचा ह्या 21व्या संसारीक मराठी संमेलनाचो समारोप जालो. हे वेळार ते उयलयातले. भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, कला अकादमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार हे समारोपाक हाजीर आशिल्ले.संवसारीक मराठी संमलेनाचे उक्तावण शुक्रारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. फाटले तीन दिस संमेलनात तरेकवार विशयाचेर परिसंवाद तशेच मुलाखती जाल्यो. समारोपावेळार गोंयच्या आयोजन समिती वांगड्यांचो भोवमान जालो.

अ‍ॅक्वा गोवा -

अ‍ॅक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवा सारकिल्ल्या महोत्सवातल्यान राज्यातल्या नुस्ते वेवसायाक उर्बा मेळटा अशें केंद्रीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हांणी सांगले. ते कांपाल पणजे जाल्या ३ दिसांच्या अ‍ॅक्वा गोवा नुस्तें महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यांत उलयताले. ९ , १० आनी ११ जानेवारीक  जाल्ल्या ह्या महोत्सवांक लोकांची उपस्थिती बरी आशिल्यांचे सांगून हो महोत्सव आनीक मोठ्या प्रमाणांत जावंचो असो हावेस भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी उक्तायलो. ते ह्या कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकर , कला अकादमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार ह्या खात्याचे सचीव प्रसन्ना आचार्य हेवूय माचयेर हाजीर आशिल्ले. खात्याचे संचालक चंद्रकांत वेळीप

हांणी येवकाराचे उलोवप केले जाल्यार पालवी संचालक डॉ. स्मिता मजुमदार हांणी सगळ्यांचे उपकार आठयले.

हवामान -

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडानचड तापमान ३२.४ अंश सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २० अंश सेल्सियस नोंद जाला. मुरगांवा चडान चड तापमान ३३.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यात उणे २० अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. फुडले तीन दिस सकाळी हलके ते मध्यम स्वरुपाचे धूके पडपाचो अदमास गोंय वेदशाळेन उक्तायला.

**सुभाष शिरोडकार**

खेळां सर्तीतल्यान तरणाट्यां मदीं शिस्त आनी उर्जा निर्माण जाता. खेळ हो जिणेचो अभिन्न भाग अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगले. शिरोडाच्या शिरोडा पंचायतीच्या सुभाष चंद्र बोस मैदानाचेर आयोजीत केल्ल्या बेतकी प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीचें उक्तावण  मंत्री सुभाष शिरोडकर आनी बोरीचे सरपंच सागर नायक हांच्या हाजिरेंत जालें. उक्तावण उपरांत मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी प्रेक्षकांक संबोधीत करतना शारिरीक फिटनेस आनी सक्रिय जिणे पद्दतीचें म्हत्व सांगलें. ह्या उक्तावणाक लागून खेळांत तरणाट्यांचो वांटो वाडोवपाचो आनी समाजीक समरसताय वाडोवपाच्या हेतान आयोजीत केल्ली क्रिकेट सर्त अधिकृतपणान सुरू जाली. उक्तावण सुवाळ्याक व्हड प्रमाणांत खेळगडे, खेळां मोगी आनी थळावे नागरिक हाजीर आशिल्ले.

क्रिकेट - ९०

भारत आनी न्युझीलंड पंगडामदल्या तीन एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेत काल राती वडोदरात जाल्ल्या पयल्या खेळात भारतान न्यूझीलंडाक

चार गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना न्यूझीलंड पंगडान निर्धारित ५० षटकांत आठ बाद ३०० धावंड्यो केल्ल्यो. डॅरिल मिशेलान सगळ्यात चड ८४ धावंड्यो केल्यो, तर हेन्री निकोल्सन हांणे ६२ धावंड्यांचे योगदान दिले. उपरांत भारतान ४९ व्या शटकात न्युझीलंड पंगडान दिल्ले ३०१ धावंड्यांचे मोख हुंपले. कर्णधार शुभमन गिल हांणे ५६ जाल्यार विराट कोहलीन बेसबरो खेळ करताना ९३ धावंड्यो केल्यो. हे खेळामाळेतलो दुसरा खेळ बुधवारा राजकोटात जातलो जाल्यार तिसरो आनी निमणो खेळ १८ जानेवारीक  इंदूरात जातलो.